आकाशवाणी पनजी
प्रादेशिक खबरो

5 March 2026 7.20 pm

- गोय विधानसभेचे अर्थसंकल्पीय अधिवेशन 6-24 मार्च ह्या काळात जातले
- मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज शिरगांवा लईराई देवीच्या जात्रेच्या फांटभुयेंर तयारीचो प्रत्यक्ष भेट दिवन सुरक्षिततायेची उपाय येवजण, तशेचं हेर तयारी विंशी नियाळ घेतलो.
- Goa cashew fest 2026 चे आयोजन पणजे दयानंद बांदोडकर मैदानाचेर अंदु 10 ते 12 April ह्या काळात केला
- फोंडा तालुक्यात अंत्रुज शिगमोत्सवाचें उक्तावण मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी आज केले.मजगती मडगावच्या मठग्रामस्थ हिंदू सभेवतीन मनोवपी जांबावले हांगाचो शिगम्याचो उत्सव आयज रातीसावन सुरु जातलो

गोय विधानसभेचे अर्थसंकल्पीय अधिवेशन 6-24 मार्च ह्या काळात जातले अधिवेशनात फाल्या पयलेच दिसा मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत 2026 - 27 अर्थीक वर्साचो अर्थसंकल्प सादर करतले. 27 मार्च मेरेन अर्थसंकल्पीy अधिवेशन चलतले.

भाजपा सुकाणु समितीच्या आयज जाल्ल्या बसकेत येवपी विधानसभा अधिवेशन, सीसीपी वेंचणूक, फोंण्याची पोटवेंचणूक, नगरपालिका वेंचणूक अशा वेगवेगळया विशयांचेर चर्चा केली. उद्देग प्रतिनिधीं कडेन चर्चा केल्या आनी अर्थसंकल्पा खातीर सामान्य लोकां कडल्यान सुचोवण्यो मागल्यात. राज्या खातीर बरो अर्थसंकल्प मांडपाचो यत्न करतलो अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगले

मुंबय उच्च न्यायालयाचे आदले न्यायाधीश संदीप शिंदे हांणी गोंयचे लोकायुक्त म्हूण सोपूत घेतलो. राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी तांका अधिकार तशेच गोप/नीय/तेचो सोपूत दिलो. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नायक, मंत्री सुदीन ढवळीकार, विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. अंबादास जोशी हांचो कार्यकाळ सोपले उपरांत 14 म्हयन्या उपरांत गोंयांक लोकायुक्त मेळ्ळा. आदले न्यायाधीश संदीप शिंदे हे गोंयचे चौथे लोकायुक्त आसतलें.

गोंयांक पयली बशेन आशिल्लया गोंयाप्रमाण करपाक हे फावट विरोधक सराकराक धारेर धरतले अशे गोवा फोवरर्ड पक्षाचे मुखेली आनी फार्तोडाचे आमदार विजय सरदेसाय हांणी म्हणला . गोंयकारांक आपले राज्य सुरक्षित जाय. मात गोंयांत सध्या प्रशासनान पारदर्शकता ना, भ्रश्टाचार वाडला, सैमाचो इबाड जाता, प्रादेशिक आरखड्याचो विशय अजनुय हुमकळता, कोळ/श्याचे प्रदुशण, लायटीची वाडलेली बिला. बेरोजगारी, मेगा प्रोजेक्टस, पंचाय आणि

नगरपालिकेनी वाडील्लो गैर/कारभार, शेतकी जमनीची न्हयाचे राखण, म्हादय, खण वेवसाय, कायदो आनी सुवेवस्थेचो प्रस्न, सामाजिक कल्याण सुरक्षेच्यो अडकुन उरील्लयो येवजण्यो, प्रदुशण, तिसऱ्य जिल्ह्याची स्थापणुक हे **विशय** विरोधक हे फावट लावन धरतले अशे विजय सरदेसाय हांणी म्हणला. अर्थसंक्लपिय अधिवेशनाच्या फांटभुयेंर आपणे गोंयकारंकडल्यान सुचोवण्यो मागयिल्लयो.तातुंन आपल्याक दोन हजार एकशे tryannv सुचोवण्यो आयल्यात . लोकांचे हे प्रस्न आपुण मांडटलो अशी म्हायती तांणी दिल्या.

Goa khazan संरक्षण आणि पुनर/संचयन विधेयक सादर केला ते सरकारान चालीक लावपाची मागणी सरकाराकडे करतले अशी म्हायती रेव्हुलेशनरी गोवन्स पक्षाचे सांत आंद्रेचे आमदार विरेश बोरकार हांणी दिल्या.गोंयांत सुमार १८ हजार हेक्टर खाजन शेतीची सुवात आसा. हांतुल्ले १२.५ प्रतिशे भाग हो शेतकी वाठार. गोंयांतले ५० हजार शेतकार ह्या खाजन शेती वेवसायचेंर निंबुन आसात. हे शिवाय सुमार पाचशे परस चड रेंदेर, तशेंच गोंयचे मीठा/गराचे वेवसाय करपी वेवसायक हांचेंर निंबुन आसात. मात हे विशीची जतनाय फावो ते प्रमाण जायना. खाजन शेतीची जमिन संरक्षित उरची ही मागणी हे फावट लावन धरतले अशे विरेश बोरकार हांणी म्हणला. तशेंच नगर नियोजन विधेयक दुरुस्ती, जमिन रुपांतरण, पंचायत राज दुरुस्ती तशेच हेर सादर केल्ली विधेयका ह्या विधान सभेवेळार मांडटले अशी म्हायती विरेश बोरकार हांणी दिल्या.

हयो खबरो तुमी आकाशवाणीच्या पणजी केंद्रवेल्यान आयकतात

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज शिरगांवा लईराई देवीच्या जात्रेच्या फांटभुयेंर तयारीचो प्रत्यक्ष भेट दिवन सुरक्षिततायेची उपाय येवजण, तशेचं हेर तयारी विंशी नियाळ घेतलो. जात्रेत वाटो घेवपी धोंणानी, तशेंच भाविकांनी शिस्तीन देव दर्शन घेवचे अशे आवा/हन मुखेलमंत्र्यान केला. तशेंच उपाय येवजणेच्या फांटभुयेंर सरकारान आवश्यक ती सगळी पावला उबारल्यात अशी म्हाय़ती मुखेलमंत्र्यान दिल्या. अंदु 21 एप्रिलाक लईराई देवीची जात्रा जातली. पोरु जाल्या चेगरा चेंगरीच्या फांटभुयेंर अंदु सरकारान ह्या जात्रेखातीर खासा लक्ष दिंवन सुरक्षा, तशेंच सोयिस्कर उपाय येवजण्यो भाविकांखातीर आखल्यात.

मुखेलमंत्री दोतर प्रमोद सावंत हांणी येरादारी खाते,तशेंच गोंयच्या पस्तीस टॅक्सी संघटनाच्या जाळ/वण/दारांकडे आयज digital taxi policy विंशी मंत्रालयात आपयिल्ली बसका खंयच्याच निश/कर्षा विणे जाली. डीजीटल एप बेस्ड टॅक्सी सेवेक टॅक्सी संघटनेच्य जाळवणदारांनी विरोध केला. गोंयांत टॅक्सीअप उपकरना, हेर राज्याच्य तुळेत गोंय हे ल्हान राज्य, अशे केल्यार आमच्या पांरपारीक टॅक्सी वेवसायाचेंर परीणाम जातलो अशे संघटनेच्या जाळवणाराचें म्हणणे आसा.

इतले मजगती मुखेलमंत्री दोतोर  प्रमोद सावंत हांणी हे विंशी उलयतना गोंयात येवपी पर्यटकांक तशच  टॅक्सी वेवसायिकांक  येरादारी सेवा दितना येवपी प्रस्न सुटावे करपाच्या हेतान डीजीटल माध्यम गरजेचे आसा अशे म्हणला. जतनाय सुरक्षीतताय आनी पारदर्शकता हाका महत्व दित टॅक्सी वेवसायिकांनी डिजीटल माध्यमाचेंर येवचे अशे आपणे टॅक्सी वेवसायिकांक सागला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिला.

Goa cashew fest 2026 चे आयोजन पणजे दयानंद बांदोडकर मैदानाचेर अंदु 10 ते 12 April  ह्या काळात केला.अंदु honouring a fruit celebrating  a legacy  ह्या संकल्पनेचेर ह्या महोत्सवाचे आयोजन केला. महोत्सवाचे उक्तावण मुखेलमंत्री दो.प्रमोद सावंत हांच्या  हस्तुकी जातले अशी म्हायती गोंय रान उदरगत म्हामंडळाची अध्यक्ष आनी पर्येची आमदार देविया राणे हांणी पणजे घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत दील्या.

फोंडा तालुक्यात अंत्रुज शिगमोत्सवाचें उक्तावण मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी आज केलें. ह्या वेळार केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नाईक,पर्यटन मंत्री रोहन खवटे, aani हेर मानेस्त  हाजीर आशिल्ले.  ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी सांगलें की, गोंयांत शिगमो उत्सवाची व्हड परंपरा आसा. सर्गेस्त मंत्री रवी नाईक हानी गोयचे दायज सार्वजनिक पद्धतीन लोका मुखार पावपाखातीर सरकारी पातळीचेर शिगमोत्सवाची सुरुवात केली. जसे आमची संस्कृताय तिगोवन दवरपा खातीर आमी वावुरतात , त्याच पद्धतीन गोयचो सैमिक वाठार  आणि सैमाची राखण करपा खातीर प्रत्येकान पावल मारप गरजेचे आसा.

3मजगती मडगावच्या मठग्रामस्थ हिंदू सभेवतीन मनोवपी जांबावले हांगाचो शिगम्याचो उत्सव आयज रातीसावन सुरु जातलो . ११ मार्चमेरेन हो उत्सव चालू आसतलो. जांबावलेचो नामनेचो गुलालाचो उत्सव मंगळार १० मार्च दिसा जातलो

8वी अखील गोंय वुशू चॅम्पियनशीप 2026, तशेंच दुसरी आंतर महाविद्यालय वुशू सर्त 2026 येसस्वी जाली. ह्या सर्तीचें वस्तादपण फोंडेंच्या सरकारी उच्च माध्यमीक विद्यालयान जोडलें. सर्तीचें उपवस्तादपण मुआय थाय अकादमी धारगळ हांकां मेळळें

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्ले प्रमाण गोयात कमाल तापमान बत्तीस पूज्य णव अंश celcius आसतले जलयार किमान तापमान चोवीस पूज्य चार अंश celcius आसतले